नितळसाण, स्वदेशी आनी आत्मनिर्भरता ही गांधीजींची आदर्श तत्वां राष्ट्राच्या वाटचालीक मार्गदर्शक आसात- मुख्यमंत्री

ता. 2 ऑक्टोबर 2026

पोरणे गोंयच्या गांधी चौकात आयज आयोजीत राज्य पांवड्या वयल्या सुवाळ्यात राष्ट्रपीता महात्मा गांधीजींची 157 वी जयंती मनयली. ह्या सुवाळ्यात देशाचे आदले प्रधानमंत्री लाल बहादूर शास्त्री हांचीय जयंती मनयली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी महात्मा गांधीजीं आनी लाल बहादूर शास्त्री हांका आदरांजली ओपली.

ह्या सुवाळ्यात उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी महात्मा गांधीजीं आनी लाल बहादूर शास्त्री हांच्या आदर्शांचो आनी तांणी राष्ट्रा खातीर दिल्ल्या योगदानाचो उगडास करून "महात्मा गांधींजीचे सत्य, अहिंसा आनी स्वदेशी हे आदर्श, तशेंच नितळसाण, ग्रामीण विकास, शेतकरी कल्याण आनी आत्मनिर्भरता ही तांची दूरदिश्टी देशाक सतत मार्गदर्शन करता, अशें सांगलें. तांच्या ह्याच मूल्यांप्रमाण आत्मनिर्भर भारत घडोवपा खातीर प्रयत्न चालू आसात, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या नेतृत्वाखाला राबोवपात येवपी 'स्वच्छता ही सेवा' अभियान आनी विविध स्वच्छता उपक्रमांचेर उजवाड घातलो.

डॉ. सावंत हांणी फुडें सांगलें, गोंय सरकार केंद्र सरकारच्या सहकार्यान घुंवळीं वखदां आनी क्षयरोगमुक्त भारत निर्माण करपा खातीर काम करता आनी ह्या प्रयत्नांक यश येवपा खातीर समाजातल्या सगळ्यां लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे आशिल्ल्याचें सांगलें. आतंकवाद आनी नक्षलवादाआड केंद्र सरकारान सुरू केल्ल्या प्रयत्नांचोय तांणी उल्लेख केलो. विकासाच्या वाटचालीचेर उलयतना मुख्यमंत्र्यान युवाशक्ती, नारीशक्ती, किसानशक्ती आनी गरीब कल्याण हे चार आधारस्तंभ भारत देशाक आत्मनिर्भरते कडेन घेवन वतले, अशेंय सांगलें. तशेंच तांणी देशाक आत्मनिर्भर करपा खातीर लाल बहादूर शास्त्री हांचो 'जय जवान, जय किसान' हो संदेश महत्त्वाचो आशिल्ल्याचे सांगलें.

ह्या वेळार समर्पित सेवे खातीर उजो पालोवपी दळाचे अधिकारी रोहिदास डी. परब आनी पांडुरंग एस. काणकोणकर, अमित व्ही. रिवणकर, विनायक व्ही. नाईक आनी उगम व्ही. शेट गोवेकर हांचो सत्कार केलो.

ह्या कार्यक्रमाक ऊर्जा आनी नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्री श्रीपाद नाईक, कुंभारजुवेचे आमदार श्री राजेश फळदेसाय, जिल्हा पंचायत सदस्य श्री सिद्धेश एस. नाईक, ओल्ड गोवा पंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती मेधा एम. पर्वतकर, गोंय सरकारचे मुख्य सचिव, आयएएस डॉ. व्ही. कंदवेलू; प्रशासनातले अधिकारी , हेर मानेस्त आनी नागरिकउपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/667

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.